*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीजच्या महिला विभागाची बसका**

ता. 26 नोव्हेंबर 2019

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीजच्या महिला विभागाच्या महिला उद्देजक सोंपेपणां विभागान "मंडळाक भेटात" ह्या संकल्पनेखाला आपली पयली बसका हालीच गोवा चेंबराच्या परिशद सभाघरात आयोजीत केल्ली. श्रीमती सुलक्षणा प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं बसकेच्या कार्यक्रमाचे उकतावण जाले. ह्या वेळार उलयताना श्रीमती सावंत हांणी महिलांनी आत्मनिर्भर जावपाची गरज उकतावन आपली इत्साशक्त आनी कुशळतायेच्या बळार उद्देग-वेवसायात देवपाचो उलो मारलो आनी त्या खातीर सरकारच्या वेगवेगळ्या आर्थिक येवजणांचो फायदो घेवपाचोय सल्लो दिलो.

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीजच्या महिला विभागाच्यो अध्यक्षा श्रीमती पल्लवी साळगांवकर हांणी सांगले, की वेगवेगळ्या उद्देजकांच्या समुहावांगडा अशा तरेन नेमान "मंडळाक भेटात" बसकांचे आयोजन करपात येतले, जातूंत महिला उद्देजक आनी आप मजत गटांच्या प्रतिनिधीक एकटाय येवन मंडळा वांगडा चर्चा करपाक मेळटली.

आर्थिक विकास महामंडळ आनी उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खात्याच्यो प्रतिनिधी पुजन मकवाना आनी आरती देसाय हांणी महिला उद्देजकांखातीर उपलब्ध आशिल्ल्या वेगवेगळ्या येवजणांविशीं म्हायती दिली.

वृषाली पार्सेकर हांणी बसकेच्या कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

महिला सोंपेपणा मंडळ (हेल्प डेस्क) हो गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीजच्या महिला विभागान सुरू केल्लो एक बरो उपक्रम आसून महिला उद्देजकांक फुकट मार्गदर्शन करतात. मंडळाच्या गाभो समितीचेर अध्यक्ष म्हुण पल्लवी साळगांवकार जाल्यार बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याच्यो संचालीका श्रीमती दिपाली नाईक, स्वाती राणे, एड. प्रियांका कामत, इन्सेया अली ह्यो वांगडी आसात.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/798

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA